PRABODHAN EDUCATION SOCIETY'S

VIDYA PRABODHINI COLLEGE OF COMMERCE, EDUCATION, COMPUTER AND MANAGEMENT, VIDYANAGAR, PARVARI, GOA.

**F.Y.B.A.B.Ed. SEMESTER END EXAMINATION**

**OCT-NOV/APRIL, MAY-JUNE 2018-19 (REGULAR / REPEAT / SPECIAL REPEAT)**

**SUB: KONKANI (ELECTIVE) SHORT STORY AS A LITERARY FORM**

**SEMESTER: I** **DURATION: 02 HOURS** **MAX. MARKS: 70 MARKS**

**********************************************************************

सुचोवण्यो: 1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.

3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

**********************************************************************

प्रस्न 1. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(2x6=12)**

1. पात्रां आनी ताच्या प्रकारांचेर भासाभास करात.
2. कथेच्या प्रकारांची वळेरी दिवन खंयच्याय दोन प्रकारांचेर खोलायेन बरयात.
3. पाश्चात्य व्याख्यांच्या आधारान कथेची संकल्पना तुमच्या उतरांनी बरयात.

प्रस्न 2. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो बरयात. **(3x4=12)**

1. 'रोबोटीक वॉरफॅर' ह्या कथेचें खाशलेपण तुमच्या उतरांनी बरयात.
2. 'खेळ' हे कथेंत जाण्ट्यांचो संवसार भुरग्यांच्या खेळांतल्यान कसो आमच्या मुखार येता?
3. 'भुरगीं म्हगेलीं तीं' कथेंतल्या रोजालीनाचें आनी माडाचें नातें तुमच्या उतरांनी स्पश्ट करात.
4. 'प्रातिनिधीक कथां झेलो' ह्या पुस्तकांत बायलमनशेच्या खंयच्या प्रस्नांचेर उजवाड घाला?
5. लकप्पा ह्या पात्राचें चित्रण तुमच्या उतरांनी करात.

प्रस्न 3. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** वाक्यांचें संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. **(3x4=12)**

1. "ह्यावूय लग्नाचें येजमानपण आमीच करतलीं"
2. "पगार नाका तुका? भुरगींबाळां कितें खातलीं? "
3. "धडधाकट हो बापूय आसून, म्हाजीं पोरां पेजेक पादीशेर "
4. "कितलो तेंप हें चलतलें? चलो जायसर?"
5. "मार तूं आसिनातूर."

प्रस्न 4. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(3x4=12)**

1. सदा आनी गौरीचें नातें तुमच्या उतरांनी स्पश्ट करात.
2. 'वेगळीं मनशा' ह्या कथेंत निकिताच्या मांय-मावाचे कित्याक मनपरिवर्तन जाता?
3. सत्री शेणल्या उपरान्त जाल्ली हेमंताची अवस्था तुमच्या उतरांनी बरयात.
4. अग्नीभक्ताक गांवांत कित्याक मान मेळटा?
5. शाणो रामाचें पात्रचित्रण तुमच्या उतरांनी करात.

प्रस्न 5. अ) सकयल दिल्ल्या **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (5x1=05)

1. रास नाम वापरुन एक वाक्य तयार करात.
2. कोण व्होदोळच्यान दारार मारता काय? (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)
3. अनिश्चित संख्या विशेशण वापरुन एक वाक्य बरयात.
4. हांव सदांच सकाळीं उठून पासयेक वता. (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)
5. गौरीश गोंयांतलो फामाद वकील. (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)

ब) सकयल दिल्ल्या **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (5x1=05)

1. आब्बा! तूं म्हाका शाणेपणां सांगता? (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)
2. संबंदी अव्ययाची व्याख्या बरयात.
3. निशीत रातचो झेमेंत सोफारुच न्हिदलो. (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)
4. काळवाचक क्रियाविशेशणाची देख दिवपी एक वाक्य बरयात.
5. हांव गेल्ले तांगेर पूण ती घरा नासली. (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)

प्रस्न 6. अ). सकयल दिल्लो उतारो **कोंकणींत** अणकार करात. (1x6=06)

Global warming, climate change, environmental pollution – these are large-scale, global problems and it is easy to feel overwhelmed about making a real change. But the truth is, even small efforts made by a single person for households or neighborhoods can make a big difference in the war against climate change.

ब). सकयल दिल्लो उतारो **इंग्लीशींत** अणकार करात. (1x6=06)

उदका खातीर गोंयकारांक वणवणचें पडटा ही गजाल खरी. पूण तो सैमाचो दोश न्हय. इतलो पावस पडटा पूण तें उदक सांठावपाची आमकां बुद्ध ना. तितली एक गजाल सोडली जाल्यार आमकां गीम चड कश्ट दिना. माय चडूच तापलो जाल्यार दर्याच्यो वेळो साद घालतात. खरें म्हळ्यार आमकां गीम असो लागचना.

*******************************************************************************************